## **मुख्यमंत्र्याहस्तुकीं राष्ट्रीय शिक्षणीक धोरण संक्रमण मार्गदर्शिकेचे विमोचन**

ता. 13 जून 2022

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पर्यटन भवन, पणजी हांगा आयोजीत कार्यक्रमात शाळां आनी महाविद्यालयांखातीर तयार केल्ल्या 'Together Agile - टुगेदर एजायल' (शिकवणी आनी शिक्षणात आत्मनिर्भर गोंय) ह्या राष्ट्रीय शिक्षणीक धोरण संक्रमण मार्गदर्शिका पुस्तकाचे विमोचन केले. हे पुस्तक ग्रोथ अँड डेव्हलपमेंट प्लॅटफॉर्म (जीडीपी) फाउंडेशनान प्रकाशीत केला आनी ते फाउंडेशनाचे वेवस्थापकीय विश्वस्त श्री किशोर एम. शाह हांणी बरयला आनी अग्रलेखन लेफ्टनंट जनरल डॉ. माधुरी कानिटकर (सेवानिवृत्त) हांणी केला.

शिक्षण सचीव श्री रवी धवन, मुख्यमंत्र्यांचे सचीव श्री अजित रॉय, उच्च शिक्षण संचालक श्री प्रसाद लोलयेकर, शिक्षण संचालक श्री शैलेश झिंगडे; राज्य शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळाचे संचालक श्री नागराज होन्नेकरी; सहयोगी प्राध्यापक श्री गोपाल प्रधान ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान मुळाव्या शिक्षणासावन राष्ट्रीय शिक्षणीक धोरणाची अंमलबजावणी करून गोंयान शिक्षणाच्या मळार एक पावल मुखार मारला अशें सांगलें. 'टूगेदर AGILE' मार्गदर्शिका पुस्तकाक लागून सगळ्यां शिक्षणीक संस्थांक राष्ट्रीय शिक्षणीक धोरणाची अंमलबजावणी करपाक आनी राष्ट्रीय शिक्षणीक धोरणाप्रमाण मुखार कशें वचप हे जाणून घेवपाक मदत जातली अशें सांगलें. राष्ट्रीय शिक्षणीक धोरण समानता, गुणवत्ता, तांक आनी जबाबदारी ह्या मूलभूत आदाराचेर तयार केला. हे पुस्तक राज्यांतल्या सगळ्यां शिक्षण संस्थांनी पावतले हांची शिक्षण संचालकांनी जबाबदारी घेवची. उच्च शिक्षणात राष्ट्रीय शिक्षणीक धोरणाची कशीं अंमलबजावणी करप हाचे नियोजन सरकार ह्या वर्सा करपाचे आसून सगळ्यां संबंदीतांक विस्वासात घेवन कृती आराखडो तयार करतले, अशेंय तांणी सांगलें.

विश्वस्त ॲड.अमेय सलत्री हांणी उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/405

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji